Date :06/06/2026 खबरो 8.40pm

मुखेल खबरो

- संवसारीक अर्थीक संकश्ट आसून लेगीत भारतीय अर्थवेवस्थ घटमूत आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणला.
- फुडल्या पांच वर्सांत भारतान दर्या निर्गत 8 अब्ज डॉलरांवेल्यान 30 अब्ज डॉलर मेरेन वाडोवपाचो हेतू दवरचो अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी म्हळा.
- जम्मू-काश्मीरा विशीं फटीचे दावे पातळावपा खातीर पाकिस्तान संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा मंडळांतल्या कायम नाशिल्ल्या वांगड्याचो गैरवापर करता अशें भारतान सांगलां
- देशातले 9लाख,42हजारा मायास शेतकार "खेत बचाओ अभियानात वाटेकार जाल्यात अशे शेतकार कल्याण मंत्रालयान सांगलां.
- भारतीय ग्रॅण्डमास्टर आर. प्रग्नानंदन हाणे ओस्लोत नॉर्वे बुद्धिबळ वास्तद्पण जिंकून इतिहास घड्यलो.

संवसारीक अर्थीक संकश्ट आसून लेगीत भारतीय अर्थवेवस्थ घटमूत आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. 2025-26 वित्तीय वर्सा देशांत 7.7 टक्क् वाड नोंद जाल्या अशें तांणी सांगलें. काल दमनांत सुमार 2,हजार 970 कोटी रुपयांचे जायते उदरगत प्रकल्प ताणी चालिक लायले . भारत ही संवसारांतली एक नेटान वाडपी अर्थवेवस्था आसा अशे ह्यावेळार मेळाव्याक मार्गदर्शन करतना ताणी सांगलें, . समावेशी मुळावी बांदावळ उदरगत आनी गरीबां खातीर कल्याणकारी येवजण्यांक प्राधान्य दिवन देश सुदारणा मार्गाचेर मुखार वतलो अशें आश्वासन तांणी नागरिकांक दिलें.
ताचे पयली प्रधानमंत्रांनी सुरातांत 18 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाचे वेगवेगळे मुळावे प्रकल्प सुरू केले. ह्या वेळार प्रधानमंत्र्यान भारताची वट्ट नवीकरणीय उर्जा क्षमता 250 गिगावॅट आसा, तातूंत गुजरातांचें योगदान 50 गिगावॅट आसा अशी म्हायती दिली. सौर उर्जेतल्यान हरित हायड्रोजन आनी हरित अमोनिया कडेन वाटचाल करून उर्जा मळार आत्मनिर्भर जावपाक गुजरात म्हत्वाची भुमिका निभावपाक तयार आसा अशें तांणी सांगलें.

फुडल्या पांच वर्सांत भारतान दर्या निर्गत 8 अब्ज डॉलरांवेल्यान 30 अब्ज डॉलर मेरेन वाडोवपाचो हेतू दवरचो अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलें. विशाखापत्तनमांत दोन दिसांच्या राष्ट्रीय कार्यशाळेंत ते पत्रकारां वांगडा उलयताले . नुस्तेमारी मळाखातीर जागतीक बाजारपेठेंत प्रवेश वाडोवपा खातीर सरकार बंदील आसा अशे तांणी सांगलें,. फाटल्या साडेतीन वर्सांत भारतान विक्रमी णव मुक्त वेपार काबलती केल्यात, जाका लागून 38 देशांच्या बाजारांत संदी निर्माण जाल्यात आनी भारतीय नुस्त्याचीं उत्पादनां संवसारभरांतल्या गिरायकां मेरेन पावपाची खात्री जाल्या अशें तांणी नदरेक हाडलें. संवसारीक नुस्त्याच्या उत्पादनांत भारताचो वाटो 8.8 टक्के आसा अशें नुस्तेमारी, पशुपालन आनी दुग्ध मंत्री राजीव रंजन सिंग हांणी सांगलें. मजगतीं, अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्री चिराग पासवान हे दर्यांतल्या अन्न प्रक्रिया क्षेत्रांतल्या व्हड संभाव्यताये विशीं उलयले. त्यांचे राज्य देशाच्या सागरी खाद्य निर्यातीत महत्त्वपूर्ण योगदान दिता अशे आंध्र प्रदेशाचे मुख्यमंत्री एन.नायडू हाणी म्हणाला .

जम्मू-काश्मीरा विशीं फटीचे दावे पातळावपा खातीर पाकिस्तान संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा मंडळांतल्या कायम नाशिल्ल्या वांगड्याचो गैरवापर करता अशें भारतान सांगलां. पाकिस्तानाक आपली जापसालदारकी पाळची पडटली अशी शिटकावणी भारतान दिल्या. जम्मू-काश्मीर भारताचो एक अभिन्न आनी अविभाज्य भाग आशिल्लो, आसा आनी सदांच आसतलो अशें भारताचे कायम प्रतिनिधी पी.हरीश हांणी सांगलें. पाकिस्तानान केल्ली विधानां आनी खोटे दावे हे मुळावे वास्तवांत बदल करूंक शकनात. आमसभेत परिषदेच्या वर्सुकी अहवालाचेर चर्चा करतना पाकिस्तानाचो कायम प्रतिनिधी असीम इफ्तिखार अहमद हांणी काश्मीरा विशीं दिल्ल्या विधानांक जाप दितना पी हरीश हांणी भारताची भूमिका मांडली.

भारतीय रिझर्व्ह बँकेन विदेशी पोर्टफोलियो गुंतवणूकदारांच्या (एफपीआय) सरकारी रोख्यांतल्या गुंतवणुकीसंबंधीच्या नेमांत म्हत्वाचे बदल केल्यात. नव्या तरतुदी प्रमाण सामान्य मार्गांतल्यान गुंतवणूक करपी विदेशी गुंतवणूकदारांक आतां गुंतवणूक मर्यादा लागू जावच्यो नात.

तशेंच आरबीआयन केंद्र आनी राज्य सरकाराच्या रोख्यांखातीर आदीं लागू आशिल्ली ‘सामान्य’ आनी ‘दीर्घकालीन’ गुंतवणूक मर्यादा विलीन केल्या. आरबीआयच्या म्हणण्या प्रमाण ह्या बदलांक लागून परकी गुंतवणूकदारांक गुंतवणूक करतना चड सोयी आनी लवचीकता मेळटली. नवी मार्गदर्शक तत्वां रोखडीच लागू जाल्यांत.

विदेश मंत्रालयान सांगलें की, वर्स 2026 मेरेन वट्ट 1,हजार 076 भारतीय नागरिकांक अमेरिकेंतल्यान हद्दपार केंल्यात. विदेश मंत्रालयाचे म्हण्यारे रणधीर जयसवाल हांणी सांगलें की, 2025 वर्सा 3,हजार 567 भारतीय नागरिकांक अमेरिकेंतल्यान हद्दपार केंले. स्थलांतर आनी हालचाली विशीं दोनूय देशां मदीं चर्चा चालू आसा तशेंच कायदेशीर स्थलांतराचेर वायट परिणाम जावचो न्हय हाची खात्री करतना बेकायदेशीर स्थलांतर आडावप हो मुखेल हेतू आसा अशें तांणी सांगलें. देशांत बेकायदेशीर रितीन रावपी परकी नागरिकांचेर कायदेशीर कारवाय जाता अशें ताणी मुखार सांगलें. बेकायदेशीर बांगलादेशी नागरिकांक देशांतल्यान हद्दपार करपा खातीर द्विपक्षीय कबलात जाल्या अशें तांणी स्पश्ट केलें. ह्या व्यक्तींचें राश्ट्रीयत्व तपासपा खातीर आनी उपरांतच देशांतल्यान हद्दपार प्रक्रिया फुडें व्हरपा खातीर भारत बांगलादेशाची मजत मागता. ह्यो जायत्यो माग्ण्यो विनंती बांगलादेशा कडेन अजूनय प्रलंबीत आसात अशें तांणी नदरेक हाडलें.

आता मुखावेल्यो खब्रो

देशातले 9लाख,42हजारा मायास शेतकार "खेत बचाओ अभियानात वाटेकार जाल्यात अशे शेतकार कल्याण मंत्रालयान सांगलां. समतोल सारें वापराक चालना दिवपा खातीर सुरू केल्ली ही मोहीम आतां भौशीक चळवळींत रुपांतरीत जावपाक लागल्या. मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण आतां मेरेन हे मोहिमेक लागून 17,हजार आठ शे परस चड जागृताय कार्यावळी घडोवन हाडल्यात आनी ताचो फायदो सुमार 7लाख शेतकारांक जाला. ते भायर 1.5 लाखां वयर भाग घेवप्यांक 3,हजार 700 परस चड प्रशिक्षण कार्यावळी वरवीं समतोल सारें वापर, मातयेची भलायकी वेवस्थापन आनी शास्त्रीय शेती विशीं शिक्षण दिलां. शेतकारांक सेंद्रीय आनी पर्यायी पोशक तत्वांचो वापर करपा विशीं शिक्षण दिवपा खातीर 8,850 वयर प्रात्यक्षिका घडोवन हाडल्यात अशें मंत्रालयान सांगलें. मातयेची सुपीकताय तिगोवन दवरप, रसायनीक साऱ्यांचेर आदारून रावप उणें करप आनी टिकावू शेतिक चालना दिवप हो हे मोहिमेक हेतू आसा.

विदेश मंत्री डॉ. एस. जयशंकर आयज नवी दिल्लीत नेपाळचे विदेश मंत्री शिशिर खनाल वांगडा भासाभास करतले. हे बसकेंत वेपार, गुंतवणूक, येरादारी, उर्जा आनी लोकां मदीं संपर्क अशा जायत्या विशयांचेर चर्चा जातली. खनाल तीन दिसांच्या भारत भोंवडेर आसात. काल तांणी नवी दिल्लींत राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजीत दोवाल हांची भेट घेतली. भारत-नेपाळ द्विपक्षीय संबंद आनीक घटमूट करपाच्या मार्गाचेर दोनूय फुडाऱ्यांनी चर्चा केली. हे बसकेक लागून भारत आनी नेपाळ हांचे मदली खाशेली भागीदारी आनीक घटमूट करपाक मजत जातली अशें विदेश मंत्रालयाचे म्हणयारे रणधीर जायसवाल हांणी सांगलें.

पद्म पुरस्कार 2027 खातीर नामांकनां खातीर ऑनलायन अर्ज फुडल्या म्हयन्याचे 31 तारखेमेरेन राष्ट्रीय पुरस्कार पोर्टला वरवीं सादर करूं येतात. पद्म पुरस्कारा खातीर अर्ज आनी शिफारशी सादर करपाची प्रक्रिया 15 मार्चा सावन सुरू जाल्ल्याची म्हायती घर मंत्रालयान दिल्या. हे पुरस्कार कला, साहित्य, शिक्षण, खेळ, वैजकी, समाजसेवा, विज्ञान आनी अभियांत्रिकी, जनसंपर्क, नागरी सेवा, आनी वेपार आनी उद्देग सयत सगळ्या मळार आनी विशयांतल्या उत्कृश्ट आनी अपवादात्मक कामगिरी आनी सेवाखातीर दितात.

केंद्रीय माध्यमीक शिक्षण मंडळान गुणांचें सत्यापन आनी पुनर्मूल्यांकन करपा खातीर अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीक 7 जून मेरेन वाडयल्या.आतां विद्यार्थ्यांक आयतारा मध्यान रातीं मेरेन अर्ज सादर करपाक मेळटले अशें सीबीएसईन सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलां. हाचे आदीं निमाणी तारीक 6 जून आशिल्ली.विस्तारीत मुजत लक्षांत दवरून सगल्या पात्र विद्यार्थ्यांक अर्ज प्रक्रिया थारायिल्ल्या वेळा भितर पुराय करपाचें आवाहन सीबीएसईन केलां.

'भारतीय शांतताय सैनिक मेजर अभिलाशा बराक हांकां संयुक्त राष्ट्र संघटनेचे सरचिटणीस आंतोनियो गुटेरेस हांचे हस्तुकी प्रतिष्ठित 2025 यूएन मिलिटरी जेंडर इक्वालिटी सपोर्टर अवॉर्ड' फावो जाला.

लेबाननांतल्या संयुक्त राश्ट्रांच्या अंतरीम दळांत भारतीय बटालियनांत काम करपी मेजर बराक हांचो  संयुक्त राष्ट्र संघटनेच्या शांतताय सैनिकांच्या आंतरराष्ट्रीय दिसा निमतान भोवमान केलो. बायलांच्या सहभाग पंगडाची कमांडर आनी लैंगिक समानताये खातीर केंद्रबिंदू म्हूण तिणें केल्ल्या वावराची तोखणाय संयुक्त राष्ट्रांच्या मुखेल्यानी  केली.  मेजर बराक ही भारतीय सैन्यांतली पयली बायल लढाऊ हेलिकॉप्टर पायलट  आनी  हो पुरस्कार मेळोवपी ती तिसरी भारतीय. हाचे आदीं 2019 वर्सा मेजर सुमन गवनी आनी 2023 वर्सा मेजर राधिका सेन हांकां हो पुरस्कार फावो जाल्लो.

रशियेचो अध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन हाणी  भारताक सुखोई एसयू-५७   हे पांचवे पिळगेचें स्टेल्थ झुजारी विमान दिवपाक मान्यताय दिल्या आनी भारतांत ताचें संयुक्त उत्पादन करपाचो प्रस्ताव मांडला.

सेंट पीटर्सबर्ग आंतरराष्ट्रीय अर्थीक मंचाचेर उलयतना एसयू-57 कार्यावळींत भारताच्या सहभागाविशी रशिया उत्सुक आसा अशे तांणी सांगलें,.तशेंच एकत्रीत हवाई संरक्षण प्रणाली आनी हेर संरक्षण उपकरणांच्या मळार भारताक सहकार्य करपाची इत्सा ताणी उक्तायली. सध्या भारत ‘सुदर्शन चक्र’ नांवाची देशी हवाई संरक्षण प्रणाली तयार करता, तातूंत रशियेकडल्यान मेळयल्ली एस-400 क्षेपणास्त्र प्रणाली मुखेल भुमिका निभावू शकता. तशेच म्हायती तंत्रगिन्यानाच्या मळार भारतान केल्ल्या कामगिरीची तोखणाय करून संवसारीक सॉफ्टवेअर बाजारपेठेत भारताचो म्हत्वाचो वांटो आसा अशें ताणी नदरेक हाडलें.

हवामान

भारतीय  हवामान खात्यान केरळ आनी माहेत आयज काय सुवातानी चड’ पावस पडपाखातीरचो रेड अलर्ट जारी केला. तशेंच आयज ईशान्य भारत, कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी कराईकल, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, अंडमान आनी निकोबार जुंवे आनी लक्षद्वीपांतय चड पावस पड्पाची शक्यताय खात्यान उक्तायला .

खेळ

भारतीय ग्रॅण्डमास्टर आर. प्रग्नानंदन हाणे ओस्लोत नॉर्वे बुद्धिबळ वास्तद्पण जिंकून इतिहास घड्यलो. निमाणे फेरीत ताणे जर्मनीचो व्हिन्सेंट केमर हाका हारयलो आनी खिताब जिखपी पयलो भारतीय थारलो.

भारत आनी अफगाणिस्तान हांचे मदली कस लावपी क्रिकेट खेळ आयज सावन न्यू चंडीगढांतल्या मुल्लनपूरच्या महाराजा यादवेंद्र सिंग आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत सुरु जातलो . हो खेळ सकाळीं 9:30 वरांचेर सुरू जातलो .

एसएएफएफ बायलांच्या फुटबॉल सर्तीच्या फायनलींत आयज भारत आनी बांगलादेश पांगडा आड खेळटलो. हो खेळ सांजवेळा 6:30 वरांचेर मडगांवांत सुरू जातलो.

परतून एक फावट काय मुखेल खबरो

- संवसारीक अर्थीक संकश्ट आसून लेगीत भारतीय अर्थवेवस्थ घटमूत आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणला.
- फुडल्या पांच वर्सांत भारतान दर्या निर्गत 8 अब्ज डॉलरांवेल्यान 30 अब्ज डॉलर मेरेन वाडोवपाचो हेतू दवरचो अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी म्हळा.
- जम्मू-काश्मीरा विशीं फटीचे दावे पातळावपा खातीर पाकिस्तान संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा मंडळांतल्या कायम नाशिल्ल्या वांगड्याचो गैरवापर करता अशें भारतान सांगलां
- देशातले 9लाख,42हजारा मायास शेतकार "खेत बचाओ अभियानात वाटेकार जाल्यात अशे शेतकार कल्याण मंत्रालयान सांगलां.
- भारतीय ग्रॅण्डमास्टर आर. प्रग्नानंदन हाणे ओस्लोत नॉर्वे बुद्धिबळ वास्तद्पण जिंकून इतिहास घड्यलो.